# शेती खात्याचो ऑक्टोबर म्हयन्याचो नियाळ

ता. 8 नोव्हेंबर 2018
17 कार्तिक 1940

शेती खात्याच्या सचिवांच्या अध्यक्षतेखाला ऑक्टोबर म्हयन्यात टोंक-करंजाळे हांगा खात्याच्या कार्यालयात राज्य पातळीवयल्या समन्वय समितीची पीक विमा विशयाचेर बसका जाली.

खात्याच्या चार अधिका-यांनी धारवाडच्या कृषी केंद्रात अभ्यास दौरो केलो. अधिका-यांनी इंडो-इस्रायल भागीदारी कार्यक्रमाखाला केंद्रात भाजी लावडीचेर अभ्यास केलो.

खात्यान होम गार्डन येवजणेखाला 2018 वर्सा आंबो, काजू, सुपारी, माड, मशींग, पेर, लिंबू आनी हेर फळझाडांची 4500 रोपां शेतक-यांक वाटली.

सध्या भात पिकाची कापणी मशीना वरवी चालू आसा.

भात पिकाचे उत्पन्न बरे आसून उसरा पाडिल्लो पावस माड, ऊस आनी हेर अंतर्गत लागवडीक फायदेशीर आसा.

मा/सप/जीपीपी/जॉआ/विगां/सुसुका/2018/1639